Akashvani Panaji National news 13th April 2025, 8.40 am

**अंबेडकर जयंती निमतान फाल्यां प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हरियाणाचा दौर्यार आसतले . सकाळीं ते हिसाराक पावतलें आनी हिसार सावन अयोध्या मेरेन वेवसायीक विमानाक आनी हिसार विमानतळाच्या नव्या टर्मिनल इमारतीचो बुन्यादि फातर बसयतले . प्रधानमंत्री  मोदी भौशीक बसकेंतय मार्गदर्शन  करतले. ते उपरांत प्रधानमंत्री यमुनानगरांत उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण आनी बुन्यादी फातर बसयतले आनी ह्या निमतान मेळाव्याक मार्गदर्शन  करतले. निमाण्या मैलाक वीज पावपा वांगडाच वाठारांतल्या वीज मुळाव्या साधनसुविधांचो चालना दिवन प्रधानमंत्री मोदी यमुनानगरांतल्या दीनबंधु छोटू राम उश्णताय वीज प्रकल्पाच्या 800 मेगावॅट आधुनीक उश्णताय वीज एककाचो  बुन्यादि फातर बसयतले . गोबरधान येवजणेची दृश्टी मुखार व्हरून प्रधानमंत्री यमुनानगरांतल्या मुकरबपूरांत संपीडित बायोगॅस प्लांटाची बुन्याद बसयतले . तशेंच भारतमाला परियोजना खाला सुमार 1,070 कोटी रुपया मोलाच्या 14.4 किमी रेवाडी बायपास प्रकल्पाचें उक्तावण प्रधानमंत्री मोदी करतले.**

---

**मध्य प्रदेश सरकारान आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत वांटो घेवपा खातीर केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह आयज भोपालाचा दौर्यार आसतले. तशेंच दुद आनी दुदाच्या उत्पादनांचा  संबंदीत आशिल्ल्या सगळ्या मुखेल भागधारकांचे प्रतिनिधी हाजीर आसतले. ह्या संदर्भार मध्य प्रदेश सरकार हेरां सयत सहकार्याचो करार करून राज्याच्या दुग्ध उद्देगा खातीर म्हत्वाचे पावला उभारतले . दुद उत्पादकांची येणावळ वाडोवपा खातीर आनी ह्या वाठारांत दुदाचें उत्पादन वाडोवपा खातीर हें पावल म्हत्वाचें थारतलें अशें सांगून सहकार करारा खातीरचो निर्णय हालींच मुखेलमंत्री मोहन यादव हाणी  जाहीर केला.**

---

**फुडल्या वर्सा, प्रजासत्ताक दिसा निमतान जाहीर जावपी पद्म पुरस्कार 2026 खातीर, सरकारान नामांकनां आपयल्या. अंदू 31 जुलय मेरेन नामांकनां भरप उक्ते आसतले, आनी फाटल्या म्हयन्याच्या 15 तारखेक हि नामांकन प्रक्रिया सुरू जाल्ली. पद्म पुरस्कारा खातीर नामांकनां आनी शिफारशी फकत राष्ट्रीय पुरस्कार पोर्टलाचेर**

ऑनलायन भरपाक मेळटल्यो, अशें आमच्या खबराकरांन सांगला.पद्म पुरस्कार - पद्म विभूषण, पद्म भूषण आनी पद्मश्री, देशांतल्या सगळ्यांत उंचेल्या नागरी पुरस्कारांमदीं आसात. १९५४ वर्सा सुरु जाल्ले हे पुरस्कार, ‘विशिश्ट कामाक’ वळखुपाक आनी कला, साहित्य, शिक्षण, खेळ, वैजकी, समाजीक वावर, विज्ञान आनी अभियांत्रिकी, भौशीक वेव्हार, नागरी सेवा, तशेंच वेपार आनी उद्देग अशा सगळ्या विशयांतल्या विशिश्ट आनी अपवादात्मक कामगिरी खातीर दितात. दर वर्सा प्रजासत्ताक दिसा निमतान हे पुरस्कार जाहीर करतात. इत्सूक व्यक्तींनी awards(dot)gov (dot)in ह्या राष्ट्रीय पुरस्कार पोर्टलाचेर नामांकनां वा शिफारशी खातीर अर्ज करूं येता.

---

फुडल्या वर्सा, प्रजासत्ताक दिसा निमतान जाहीर जावपी पद्म पुरस्कार 2026 खातीर, सरकारान नामांकनां आपयल्यां. अंदूं 31 जुलय मेरेन नामांकनां भरप उक्ते आसतले, आनी फाटल्या म्हयन्याच्या 15 तारखेक हि नामांकन प्रक्रिया सुरू जाल्ली. पद्म पुरस्कारा खातीर नामांकनां आनी शिफारशी फकत राष्ट्रीय पुरस्कार पोर्टलाचेर ऑनलायन भरपाक मेळटल्यो, अशें आमच्या खबराकरांन सांगला. पद्म पुरस्कार - पद्म विभूषण, पद्म भूषण आनी पद्मश्री, देशांतल्या सगळ्यांत उंचेल्या नागरी पुरस्कारांमदीं आसात. १९५४ वर्सा सुरु जाल्ले हे पुरस्कार, ‘विशिश्ट कामाक’ वळखुपाक आनी कला, साहित्य, शिक्षण, खेळ, वैजकी, समाजीक वावर, विज्ञान आनी अभियांत्रिकी, भौशीक वेव्हार, नागरी सेवा, तशेंच वेपार आनी उद्देग अशा सगळ्या विशयांतल्या विशिश्ट आनी अपवादात्मक कामगिरी खातीर दितात. दर वर्सा प्रजासत्ताक दिसा निमतान हे पुरस्कार जाहीर करतात. इत्सूक व्यक्तींनी awards(dot)gov (dot)in ह्या राष्ट्रीय पुरस्कार पोर्टलाचेर नामांकनां वा शिफारशी खातीर अर्ज करूं येता.

---

देशांत आयात केल्ल्या स्मार्टफोन आनी संगणकांक, नव्या दरांतल्यान सुट दिवपाची घोशणा अमेरिकेन केल्या. अमेरिकेच्या कस्टम आनी बॉर्डर प्रोटेक्शनाच्या नोटीस प्रमाण, अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी चडशा देशांचेर 10 टक्के जागतीक

शुल्क, आनी चीनी उत्पादनाचेर 145 टक्के शुल्कांतल्यान, स्मार्टफोन आनी संगणक वगळल्यात. ही सुट 5 एप्रील सावन, अमेरिकेंत प्रवेश करपी वा वखारांतल्यान काडिल्ल्या उत्पादनांक लागू जाता. हि सूट हेर इलॅक्ट्रॉनीक उपकरणां आनी घटकांक लागू जाता. तातूंत semiconductors, solar cells, and मेमरी कार्डांचो आस्पाव जाता. चीनांत आयफोन आनी हेर उत्पादनां तयार करपी, एपल सारकिल्याक हातूंतल्यान मजत जातली. अमेरिकेंत आयात जावपी चीनी वस्तूंचेर, ट्रम्प प्रशासनान उण्यांत उणो 145 टक्के शुल्क दर लायल्या उपरांत, ही घोशणा जाल्या. हाचे आदीं राष्ट्राध्यक्ष ट्रम्प हांणी सांगलें, कि चडशा अमेरिकेच्या वेपारी भागीदारांक, आपल्या 10 टक्के दरांत कांय प्रमाणात सुट दिवंक शकता.

---

भारताच्या विदेशी चलनाच्या साठ्यांत 10.8 अब्ज डॉलर वाड जावन 4 एप्रीलाक 676.2 अब्ज डॉलर परस चड वाड जाल्या .भारतीय रिझर्व्ह बँकेन जाहीर केल्ल्या सप्तकी सांख्यिकी पूरका प्रमाण फाटल्या सप्तकांत साठ्यांचो एक मुखेल घटक आशिल्ली परकी चलनाची मालमत्ता 9.07 अब्ज डॉलर परस चड वाडून 574 अब्ज डॉलर परस चड जाल्या. भांगराच्या सांठ्यांत 1.56 अब्ज डॉलर परस चड वाड जावन वट्ट 79.36 अब्ज डॉलर जाल्या.

---

आयज पंजाबांत बैसाखीचो उत्सव उमेदीन मनयतात. ह्या दिसाक धर्मीक, संस्कृतीक आनी इतिहासीक मोल आसा. ह्या दिसा खालसा पंथाची थापणूक जाल्ल्या . शेत कापणीचो उत्सव म्हणून हो म्हत्वाचो आसा. 1699 वर्साच्या ह्या दिसा; धाव्या गुरू श्री गुरू गोविंद सिंग जी हांणी श्री आनंदपूर साहिबांत आशिल्ल्या गुरद्वारा तख्त श्री केसगढ़ साहिब हांगा खालसा पंथाची थापणूक केली. देशभरांतल्यान आनी परदेशांतल्यान व्हड प्रमाणांत भक्त हांगा आनी अमृतसरांतल्या हेर गुरूद्वारांभायर श्री हरमंदिर साहिब हांगा सकाळीं आनी पवित्र गुरबाणी आयकूक येतात . शेतकार तांच्या शेतांत आशिल्लें गंवाचें पीक काडपाक सुरवात करून परंपरेन बैसाखी मनयतात.

---

केंद्रीय युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्री dr मंशुख मंडवीय आयज सकाळीं बाबासाहेब डॉ. Dr. Bhim Rao आंबेडकराच्या जयंतीच्या आदल्या दिसा बिहारांतल्या पाटणाच्या

वेगवेगळ्या कोनशांतल्यान वचपी प्रतिकात्मक गांधी मैदानांतल्यान dr मंडवीया पदयात्रेक ध्वजदाखयतले. "पाटणाच्या इतिहासीक गांधी मैदानांत युवा आनी स्वयंसेवक केंद्रीय युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्री dr मंशुख मंडवीय हांचे वांगडा भारतीय संविधानाची प्रस्तावना म्हणटले. जायते स्वयंसेवक ह्या कार्यावळीक हाजीर आसतले. इतिहासीक गांधी मैदान ते पाटना उच्च न्यायालय मेरेनचो फुट मोर्चा जे.पी.गोलंबर, एसपी वर्मा रोड, डाक बांगला वयल्यान वतलो." पाटणांत चौराहा, आयकर चौराहा आनी विद्या भवन क्रॉसिंग ह्या वेळार युवा, तरणाटे साध्य करपी आनी एनएसएस स्वयंसेवक विकसित त भारता खातीर योगदान दिवपाचो थाराव आपणायतले.तशेंच एक पेड माँ के नाम उपक्रमाच्या आदारान dr मांडवीया नितळसाण मोहिमेत वांटो घेतले

---

अस्तंत बंगालांतल्या मुर्शिदाबाद जिल्ह्यांत जाल्ल्या हिंसाचाराक लागून केंद्रीय घर सचीव गोविंद मोहन हांणी काल राज्याचे मुखेल सचीव आनी डीजीपी हांचे कडेन व्हिडियो कॉन्फरन्स केलें. परिस्थिती तणावाची पूण नियंत्रणांत आसा आनी ताचेर बारीक नदर दवरल्या अशी म्हायती अस्तंत बंगाल डीजीपीन दिली. तांणी फुडें सांगलें, 150 परस चड जाणांक अटक केल्या. मजगतीं, मुर्शिदाबादांत थळाव्या स्वरुपांत उपलब्ध आशिल्ल्या सुमार 300 शिमेचे सुरक्षा दळ कर्मचाऱ्यां भायर राज्य सरकाराच्या विनंती प्रमाण आनीक 5 कंपनींचो नेमणूक केल्या अशें केंद्रीय घर सचीवानी सांगलें. ताणी फुडें राज्य प्रशासनाक सल्लो दिलो की हेर संवेदनशील जिल्ह्यांचेरूय बारीक नदर दवरची, आनी बेगीन सामान्यताय सुनिश्चीत करपा खातीर फावो तीं पावलां उबारचीं. केंद्र परिस्थितीचेरूय बारीकसाणेन नदर दवरता अशें केंद्रीय घर सचीव मोहन हांणी सांगलें आनी गरज पडल्यार अतिरिक्त मनीसबळ तैनात करपा सयत राज्याक शक्य तितली मजत दिवपाचे आश्वासन दिलें .

---

---

भारतीय हवामान खात्यान आयज आसाम आनी मेघालयांत उटांगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला . केरळ, माहे, आंध्र प्रदेश, यानम, रायलासीमा आनी

**तेलंगना हांगा वादळी वारें आनी वीज पडपा वांगडाच गडगडाटाचोय अदमास भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला. दोन-तीन दिसांनी उदेंत आनी ईशान्य भारतात अशीच परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा. मुखार हवामान खात्यान आंध्र प्रदेश आनी यानम हांगा सुवार्तींनी उश्णतायेच्या ल्हारांचो अदमास उक्तायला . अस्तंत आनी उदेंत राजस्थान, अस्तंत मध्य प्रदेश, गुजरात, पंजाब आनी हरियाणा हांगा ह्या म्हयन्याच्या 14 ते 18 मेरेन उश्णताय ल्हारांची परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यान कळयला .**

---

**तिरंदाजीत, अमेरिकेंतल्या फ्लॉरिडा हांगा जाल्ल्या विश्वचषक स्टेज 1 सर्तींत, ज्योति सुरेखा वेन्नम आनी ऋषभ यादव या भारतीय जोडयेन, कंपाउंड मिश्र टीम सर्तींत भांगरा पदक जिखलें. काल रातीं जाल्ल्या रोमांचक फायनलींत, चीनी ताइपेच्या विरोधकांक हुआंग आय-जौ आनी चेन चिएह-लुन हांचेर 153-151 अशी मात करून भारतीय जोडयेन हे जैत मेळयलें.**

---